**कांपालार "सारस" प्रदर्शनाचे आयोजन**

**फाल्या मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं उक्तावण**

ता. 04 जानेवारी 2022

ग्रामीण विकास खात्यान जिल्हा ग्रामीण विकास यंत्रणा, उत्तर गोंय हांच्या सहकार्यान कांपाल पणजी हांगाच्या दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर ता. 5 ते 16 जानेवारी 2022 मेरेन "सारस" प्रदर्शनाचे आयोजन केला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं फाल्या ता. 5 जानेवारी दिसा सांजेच्या 3.00 वरांचेर ग्रामीण विकास मंत्री श्री. मायकल लोबो हांच्या उपस्थितीत प्रदर्शनाचे उक्तावण जातले.

प्रदर्शनात विंगड विंगड राज्यां आनी थळावे आप मजत गट, सरकारी खातीं, बँको आनी कारागिरांच्या उत्पादनांची 180 स्टॉलां आसतली. कारागिरांक आपली उत्पादनां विक्रीखातीर माची उपलब्ध करून दिवप हो ह्या प्रदर्शन आयोजनाचो उद्देश आसा.

ता. 6 ते 15 जानेवारी 2022 मेरेन सकाळीं 10.00 ते रातची 9.00 अशी प्रदर्शनाची वेळ आसतली. प्रदर्शन काळांत सांस्कृतीक कार्यक्रमांचेय सादरीकरण जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/09

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji